# गोंय फोटो-पत्रकार संघटनेन संवसारीक फोटोग्राफी दीस मनयलो

ता. 27 ऑगस्ट 2018
5 श्रावण 1940

गोंय फोटो-पत्रकार संघटनेन आयज संवसारीक फोटोग्राफी दीस आनी संघटनेचो 11 वो वर्धापन दीस मनयलो. संघटनेन कला आनी संस्कृती संचालनालयाच्या सहकार्यान पाटो-पणजी हांगाच्या संस्कृती भवनात आयोजित केल्ल्या कार्यक्रमाक कला आनी संस्कृतीमंत्री श्री. गोविंद गावडे मुखेल सोयरे म्हुण हजर आशिल्ले जाल्यार कला आनी संस्कृती खात्याचे संचालक श्री. गुरूदास पिळर्णकर मानाचे सोयरे आसले.

हया वेळार उलयताना कला आनी संस्कृतीमंत्री श्री. गोविंद गावडे हांणी घटनेचो चौथो खांबो म्हुण समाजाखातीर करपात येवपी योगदानाखातीर गोंय फोटो-पत्रकार संघटनेच्या वांगडयांचे अभिनंदन केले. आजकाल प्रत्येकजण आपल्या फोनाचेर फोटो घेतात. तरी फोटो पत्रकार हो धोक्याच्या परिस्थितीतय छायाचित्र घेता. अचूक छायाचित्र काडप ही तांची कुशळताय आसता. छायाचित्रकार प्रत्यक्ष घटनेचे छायाचित्र घेवन घटनेची सत्य माहिती करून दिता अशेंय मंत्र्यान सांगले.

श्री. गावडे हांणी संघटनेन आयोजित केल्ल्या सर्तींनी वाटो घेतिल्ल्या सर्तकांची तोखणाय करून आपली कुशळताय आनी बुध्दी वापरून प्रामाणिक आनी वेवसायिक भावनेन छायाचित्रण करपाक सांगले. खंयच्याय कलेत यश मेळोवपाखातीर मन लावन काम करपाक जाय, अशेंय तांणी सांगले.

हया वेळार मंत्र्याहस्तुकी फोटो-पत्रकारीता मळावयल्या योगदानाखातीर जेश्ठ फोटो-पत्रकार श्री. नारायण पै फोंडेकर आनी श्री. गुरूदास वायंगणकर हांचो सत्कार केला.

सुरवेक मंत्र्याहस्तूकी संघटनेन आयोजित केल्ल्या फोटो प्रदर्शनाचे उक्तावण जाले. हया वेळार मंत्र्याहस्तूकीं छायाचित्र सर्तीच्या जैतवंताक इनामा भेटयली. संघटनेन छायाचित्र सर्त दोन गटात आयोजित केल्ली. शाळा वर्गात अरिफ नदाफ, सारस्वत हायस्कूल, म्हापशे, मेघराज आकारकर, व्ही.डी. ॲण्ड एस.व्ही. वागळे हायस्कूल, मंगेशी आनी उर्वी कांबळी, बालभारती, विद्यामंदिर, रायबंदर हांका अनुक्रमे पयले, दुसरे आनी तिसरे इनाम फावो जाले. कु. अर्नान जोनाथन डायस आनी अन्सूल कतारे हांका उमेद वाडोवपी इनामा दिली.

उक्त्या गटात वैभव दयानंद भगत, अरूण भट्टाचार्य आनी डॉ. गौरेश गांजेकर हांका पयले, दुसरे आनी तिसरे इनामा फावो जाले, जाल्यार संजीव सरदेसाय आनी सनत शिरोडकर हांका उमेद वाडोवपी इनामा दिली.

संघटनेचे आदले अध्यक्ष श्री. उमेश बाणस्तरकर, सोयरू कोमरपंत, कैलास नाईक, अतिश नाईक आनी गणेश शेटकर हांकाय मंत्र्याहस्तूकी स्मृतिचिन्ह भेटयले.

संघटनेचे अध्यक्ष श्री. संदीप देसाय हांणी मानेस्ताक येवकार दिलो. कला आनी संस्कृती खात्याचे संचालक श्री. गुरूदास पिळर्णकर, जेश्ट फोटो-पत्रकार गुरूदास वायंगणकर हांणीय हयावेळार आपले विचार मांडले.

कला आनी संस्कृती खात्याचे संचालक श्री. अशोक परब आनी गोंय फोटो-पत्रकार संघटनेचे वांगडी हयावेळार हजर आशिल्ले.

श्री. गणेश शेटकर हांणी कार्यक्रमाचे सूत्रसंचालन केले आनी निमणे उपकार मानले.

मा/सप/टीएसएस/जॉआ/विगां/सुसुका/2018/1468